Panaji Regional 15th October 2025 7.25am

Ganesh – 55

- राज्याचे शेतकी मंत्री आनी आदले मुख्यमंत्री रवी नायक हांका मंगळारा राती काळजाच्या आताकान मरण आयले.तांची पिराय 79 वर्सा आशीललि.
- मंगळारा राती काळजाचो आताक आयील्ल्यान तांका फोणेच्या खासगी हॉस्पिटलात उपचाराखातीर दाखल केले. थय तांका दोतोरानी मृत घोषित केले. तांच्या मरणाचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दुख उक्तायला.
- मुख्यमंत्री, सरकारात मंत्री, खासदार अशी तरेकवार पदा ताणी भुशयल्या.

प्रसाद - 100

फोंडा नगरपालिकेच्या नव्यान बांदिल्ल्या प्रशासकीय इमारतीचें काल नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी उक्तावण केलें. ह्या वेळार फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष आनंद नायक, उपनगराध्यक्ष दीपा कोलवेकार, नगरसेवक रितेश नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. गोंयांत खूब उदरगत जाल्या आनी सरकार वेगवेगळे उदरगतीचे काम चालीक लायताअशे ह्या वेळार उलयतना मंत्री राणे हांणी म्हळें. केंद्र सरकारा कडल्यान चडांत चड निधी हाडून तो बऱ्या उदरगतीच्या वावराक वापरचो आनी आयचे तरणाटे पिळगेक आणि जनतेक विश्वासात घेऊन उदरगतीचे काम मुखार व्हरचें अशें आवाहन तांणी दरेका आमदार आनी मंत्र्याक केलें. गोंय हें ल्हान राज्य आनी आमकां जाग्याचो उणाव आसा, पूण ताचे तुळेन राज्यांत खूब उदरगत जाल्या अशेंय तांणी सांगलें.

गणेश 110

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) चालीक लावपा खातीर म्हाविद्यालयांक एकठांय करून क्लस्टर विद्यापीठ थापणूक करपाचो प्रस्ताव आसा. हे खातीर सरकारान भौशीक विद्यापीठ विधेयक सभाघरांत सादर केले. ह्या विधेयकाच्या अभ्यासा खातीर स्थापन केल्ले चिकित्सा समितीची पयली बसका 22 ऑक्टोबराक जातली. राज्याच्या उच्च

शिक्षणांत म्हत्वाचे बदल करपाची तरतूद ह्या विधेयकांत आसा. हाका लागून सगळ्यांचें लक्ष चिकित्सा समितीचे बसकेचेर आसा.

एकाच विद्यार्थ्याक एका परस चड विशयांत पदवी मेळोवप शक्य जावप हे खातीर म्हाविद्यालयांक एकठांय करून क्लस्टर विद्यापीठ थापणूक करपाचो प्रस्ताव आसा. हाका लागून म्हाविद्यालयांक स्वताचो अभ्यासक्रम तयार करुन परिक्षा घेवपाक मेळटल्यो. तशेंच निकाल लेगीत म्हाविद्यालयाच जाहीर करतले. हे खातीर गोंय भौशीक विद्यापीठ विधेयक सरकारान पावसाळी अधिवेशनांत मांडलें. विरोधकांनी मागणी केले उपरांत विधेयक चिकित्सा समिती कडेन धाडपाचें थारायलें.

सुशांत 50

नामनेचे खेळ तियात्रिस्त रुजारियो रॉड्रीगीस हांच्या उगडासाक गोंय तियात्र अकादमीवतीन दिवपी खेळ तियात्र पुरस्कार अंदू वर्सा मारिया क्लेफी गोम्स आनी मेक्सी परेरा हांकां जाहीर जाल्यात. खेळ तियात्राच्या मळार मोलाची कामगिरी केल्ल्या दोन म्हालगड्या तियात्रिस्तांक हो पुरस्कार दिवन भौमानीत करतात. २४ आक्टोबराक मडगावच्या रवींद्र भवनात जावपी एका सुवाळ्यात हे पुरस्कार भेटयतले.

सुशांत 90

भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी काल मडगावा लोकांची गाऱ्हाणी आयकून घेतली. ह्यावेळार मडगावचे व्यापारी, नागरीक आनी हेरांनी तांच्यामुखार आपल्यो अडचणी मांडल्यो. मडगावच्या नगरपालिका सभागृहातकाल जनता दरबार जालो. मडगावच्या स्टेशन रोड वाठारात बेकायदेशीर भाजेची विक्री जाता ती बंद करची. पिंपळा पेडावयली सुवात फकत सोमारा नाल्ल विकपाखातीर उक्ती दवरची. तसेच बाजारकरांच्या सुरक्षेखातीर सीसीटीव्ही कमेरा बसोवचे अशी मागणी वेपाऱ्यांनी केली. मडगावचो रावणफोंड रेल्वे पूल रस्तो सध्या प्रवासी येरादारीखातीर बंद दवरला. तो बेगोबेग उक्तो करचो. तसेच कदंब बस

स्थानकावयल्या गाडेवाल्यांचे स्थलांतर करचे अशी मागणी दिगंबर कामत हांचेकडेन केली.

सुशांत 100

मडगावच्या रवींद्र भवनाचे मुखेल सभाघर आनी ब्लॅकबॉक्स सभाघराचे दुरुस्तीचे काम पुराय जावक आयला. ३० ऑक्टोबर मेरेन हे काम पुराय जातले अशी म्हायती भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली. हे काम पुराय जाल्या उपरांत नोवेंबर म्हयन्याच्या पयल्या सप्तकात ही दोनूय सभाघरां लोकांखातीर उक्ती जातली अशें तांणी सांगलें. पावसाचे उदक भितर सरिल्ल्यान ह्या दोनूय सभाघरांची पाश्टा पेड्यार जाल्लीं. ते उपरांत भौशीक बांदकाम खात्यान ह्या दोनूय सभाघराचे दुरुस्तीचे काम हातात घेतिल्ले. हे काम थारायिल्ले प्रमाण पुराय जायत आयला. ह्या कामाचेर देखरेख दवरपा खातीर एक खासा समिती नेमिल्ली. ह्या समितीकडे रवींद्र भवन पदाधिकारी समन्वय सादून आसात अशी म्हायती रवींद्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी दिली.

35

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

Weather - 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत

चडांत चड तापमान 32 degrees celcius आनी उण्यात उणे

तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

DIP 40

खेळ आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय, 69व्या राष्ट्रीय शालेय खेळां सर्तीक गोंय राज्य पंगडांची निवड करपा खातीर 14 वर्सां पिराये सकयल्या भुरग्यां खातीर तायक्वोंडोंत निवड चांचण्यो घेतले.निवड चांचण्यो 16 ऑक्टोबर सकाळीं 9.30 ते 10.30 मेरेन पणजेच्या इंडोर हॉलांत जातल्यो.